प्रादेशिक खबरो :

शेतकी धोरण - 130

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाच्या हस्तुकी काल गोंय राज्य अमृतकाल शेतकी धोरण 2025चे उकतावण जाले. ही कार्यावळ पर्वरे मंत्रालयात जाली. तंत्रगिन्यान, नाविन्य, आनी सशोधनात्मक अभ्यासातल्यान शेती करपाच्या नदरेतल्यान शेतकारांक उर्बा दीवपाक ही येवजण सरकारान चालीक लायल्या अशी म्हायती मूखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार दीला. सेंद्रीय शेती, शेतकार कल्याण बोर्ड चालीक लावप,शेतकी जमीन विकपाक बंदी,गोंयच्या पुरण शेतांक पुर्नजिवित करप,आप मजत गटांक शेती करपाक खासा तरतुद,कीसान क्रेडीड कार्डाची मर्यादा वाडवप,रानटी जनावरापासत पिकावळीचे लुकसाण थांबोवपाक उपाययेवजण,agro toutismक उर्बा दीवप ह्या सारखे महत्वाचे निर्णय ह्या धोरणावरवी राज्य सरकारान घेतला अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीली.

हे शिवाय नाल्ल,काजु आनी आंब्याच्यापिकावळ वाडोवपाक संबंधीत केद्रीय बोर्डाच्या मजतीन गोयातुय संबंधित पिकावळ वाडोवपाच्या नदरूतल्यान ह्या धोरणावरवी निर्णय घेतील्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.ह्यावेळार शेतकी मंत्री रवी नायक तशेंच गोंय फलोत्पादन म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रेमेद्र शेट हाजीर आशिल्ले.

उसाची पिकावळ - 90

गोयात उसाची पिकावळ घेवपी शेतकारांचे उस सरकिर वाकत घेतले संजीवनी साखर कारखान्यावरवी केंद्र सरकारान जो दर थारायला,ते प्रमाण उस विकत घेतले अशी म्हायती मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.सरकिर फकत उस वाकत घेतले मात उस पिकावळीची सगळी जवाबदारी शेतकारांची आसतली,ही पिकावळ घेवपाक सरकाराकडल्यान मजत मेळची ना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केला. हे विशीची अधीसूचोवणी सरकार कांय दीसानी जारी करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. तशेंच घाणयारे उदक न्हंय वा सैमिक उदकाच्यो सुवातो दुशित करपी मनशांचेर वा

आस्थापनांचेर ह्याफुडे सरकार खर कारवाय करून तांका दंड दीतले अशीय शिटकावणी मुखेलमंत्र्यानी दील्या.

वास्को - 140

फाटल्या अडेच वर्सा भितर गोंयान जाल्ली उदरगतीच्या कामांचो नियाळ घेत जाल्यार २०२७ सान जावपी विधानसभा वेचणूकेंत परतून एक फावट भारतीय जनता पक्षाचेंच सरकार सत्तेर येतलें अशें पंचायत मंत्री माविन गुदिनो हाणें म्हळा.

मुरगांव नगरपालिका इमारतीचें उक्तावण केल्या उपरान्त सांजवेळा पालिले सामकार घडोवन हाडिल्ल्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हुण ते उलयताले. मंत्री गुदीनो हाणें मुखार म्हळा, की फाटल्या विधानसभा वेचणूके वेळार मोपा विमानतळ जालो जाल्यार दाबोळेचो विमानतळा बंद पडटलो म्हुण विरोधक बोवाळ मारताले. आयज मोपा परस दाबोळे विमानतळाचेर प्रवासी येरादारीचें प्रमाण जास्त आसा. वचत थंय उदरगतीची कामां सुरू आशिल्ल्याचें दिश्टी पडटा. हें फकत डबल इंजिन सरकार आशिल्ल्यान शक्य जाला अशें पंचायत मंत्री माविन गुदीनो हाणें म्हळा. मानाचे सोयरे म्हुण हाजिर आशिल्ले थाळावो आमदार दाजी साळकार हाणें आपणाल्या उलोपांत वास्को मतदार संघान ३०० कोटींची उदरगतीची कामां सुरू आशिल्ल्याचें सांगताना फुडल्या कांय दिसांनी पुराय वास्को शारांचें वेगळें रूप पळोवपाक मेळटलें अशें म्हळा. माचयेर ह्यावेळार नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार आनी हेर पालिका वांगडी हाजीर आशिल्ले.

वास्को - १५०

फाटल्या अडेच वर्सा भितर गोंयान जाल्ली उदरगतीच्या कामांचो नियाळ घेत जाल्यार २०२७ सान जावपी विधानसभा वेचणूकेंत परतून एक फावट भारतीय जनता पक्षाचेंच सरकार सत्तेर येतलें अशें पंचायत मंत्री माविन गुदिनो हाणें म्हळा.

मुरगांव नगरपालिका इमारतीचें उक्तावण केल्या उपरान्त सांजवेळा पालिके सामकार घडोवन हाडिल्ल्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हुण ते उलयताले. फाटल्या विधानसभा वेचणूके वेळार मोपा विमानतळ जालो जाल्यार दाबोळेचो विमानतळा बंद पडटलो म्हुण विरोधक बोवाळ मारताले. आयज मोपा परस

दाबोळे विमानतळाचेर प्रवासी येरादारीचें प्रमाण चड आसा अशें मंत्री गुदीनो हाणें मुखार म्हळा. वचत थंय उदरगतीची कामां सुरू आशिल्ल्याचें दिश्टी पडटा. हें फकत डबल इंजिन सरकार आशिल्ल्यान शक्य जाला अशें पंचायत मंत्री माविन गुदीनो हाणें म्हळा. मानाचे सोयरे म्हूण हाजिर आशिल्ले थाळावे आमदार दाजी साळकार हांणी आपल्या उलोपांत वास्को मतदार संघान ३०० कोटींची उदरगतीची कामां सुरू आशिल्ल्याचें सांगताना फुडल्या कांय दिसांनी पुराय वास्को शारांचें वेगळें रूप पळोवपाक मेळटलें अशें म्हळे. माचयेर ह्यावेळार नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार आनी हेर पालिका वांगडी हाजीर आशिल्ले.

एम ओ यु - ६०

बीईएमएलान काल मंगळारा गोवा शिपयार्ड लिमिटेड (जीएसएल) वांगडा दर्या प्रकल्प आनी जोड सहकार्य करपाखातीर कबलात केली. ही समजीकायेची कबलात (एमओयू) संरक्षण आनी वेवसायिक अनुप्रयोगांखातीर ग्लास फायबर-रिइन्फोर्स्ड पॉलिमर (जीएफआरपी) कंपोझिट पार्ट्स आनी असेंब्ली तशेच हेर खास दर्या उपकरणांच्या निर्मितीचेर लक्ष केंद्रित करतले. बेंगळुरूत सुरू असलेल्या एरो इंडिया २०२५ च्या फाटभूयेर बीईएमएलचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक शंतनू रॉय आनी जीएसएलचे सीएमडी ब्रजेश कुमार उपाध्याय हांच्यामदी ही समजीकायेची कबलात जाली.

राश्ट्रीय खेळां सर्त - ७०

उत्तराखंडांत सुरु आशिल्ल्या 38व्या राश्ट्रीय खेळां सर्तींत मॉडर्न पॅन्टाथलॉन खेळा प्रकारात गोंयान काल आनीक एक रुप्या पदक मेळयलें. बाबू गांवकार, हरिश्चंद्र वेळीप, आनी सूरज नोमी वेळीप हांचो आस्पाव आशिल्ल्या गोंयच्या पंगडान टेट्राथलॉनात दादल्यांच्या गटात 2835 गूण मेळोवन रुप्या पदक मेळयलें. हाका लागून मॉडर्न पॅन्टाथलॉनांत गोंयचें सातवें पदक थारलें. ह्या खेळाप्रकारात महाराश्ट्रान ३१७९ गुणांसयत भांगरा पदक जोडले,जाल्यार हरयाणान २७५६ गुणांसयत काश्या पदक जोडले.